Panaji National 14th June 2026 8.40am

- **प्रधानमंत्री मोदी आयज नीस शारांत फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले आनी संयुक्तपणान 'भारत इनोव्हेट्स' कार्यावळीचें उक्तावण करतले.**

- **मध्य प्रदेशांतल्या इंदौर शारांत पांच दिसांच्या ब्रिक्स शेतकी परिशदेचो काल समारोप जालो.**

- **इराणा बरोबरचे झूज सोंपवपाच्या कबलातिचेर आयज सयो जातल्यो आनी उपरांत रोखडोच धोरणात्मकदृष्ट्या महत्त्वाची Hormuz ची सामुद्रधुनी सगळ्यां खातीर उक्ती करतले अशें अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां.**

- **आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन ते तीन दिसांत नैऋत्य monsoon कर्नाटक, तेलंगणा, आंध्र प्रदेश, ओडिशाच्या आनीक कांय वाठारांनी आनी दक्षिण छत्तीसगडाच्या कांय वाठारांनी फुडें सरपा खातिरची परिस्थिती अनुकूल आसा.**

- **आयसीसी बायलांच्या टी-२० संसारिक करंड सर्तींत आज भारत आपल्या मोहिमेची सुरुवात पाकिस्ताना आडच्या खेळांत करतलो.**

- **दादल्यांच्या क्रिकेटांत, हिमाचल प्रदेशांत जाल्ल्या तीन मॅचींचे मालेतल्या पयल्या एकदिसांच्या खेळांत भारतान अफगाणिस्तानचेर सात विकेटींनी जैत मेळयलें.**

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फ्रांस आनी स्लोव्हाकिया ह्या दोन देशांच्या भोंवडेच्या पयल्या टप्प्यार काल राती फ्रांसच्या नीस शारांत पावले.प्रधानमंत्री मोदी आयज फ्रांसाचे राष्ट्राध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. तशेंच दोनूय फुडारी संयुक्तपणान 'भारत इनोव्हेट्स' कार्यावळीचें उक्तावण करतले, जातूंत संवसारभरांतले मुखेल इनोव्हेशन स्टार्टअप आनी व्हेंचर कॅपिटल फंड एकठांय येतात.

आपल्या दोन देशांच्या भोंवडेच्या दुसऱ्या टप्प्यांत, प्रधानमंत्री मोदी आज स्लोव्हाकियाक वतले. आपल्या दोन दिसांच्या भेटींत, मोदी स्लोव्हाकियाचे राष्ट्राध्यक्ष पीटर पेलेग्रिनी हांची भेट घेतले. ते ब्रातिस्लावांत स्लोव्हाकियाचे तांचे सम्पदस्त रॉबर्ट फिको हांचे कडेन चर्चा करतले.
स्लोव्हाकियाची भोवंडी सोपोवन, प्रधानमंत्री मोदी फ्रांसाक परततले आनी थंय या म्हयन्याच्या १६ आनी १७ तारकेक देशाच्या उदेंत भागांत आशिल्ल्या एव्हियान शारांत जावपी G7 परिशदेंत वांटो घेतले.
आपल्या भोंवडेच्या निमण्या टप्प्यांत, प्रधानमंत्री मोदी या म्हयन्याच्या १८ तारकेक युरोपांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या तंत्रज्ञान आनी स्टार्टअप कार्यावळ VivaTech Summit तांत वांटो घेवपाक पॅरिसाक वतले. मोदी पॅरिसांतल्या भारतीय समुदायाक लेगीत संबोधित करतले अशी अपेक्षा आसा.

**Trump Modi**
फ्रांसांत जावपी जी-7 शिखर सभें वेळार अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी हेर संवसारीक फुडाऱ्यांक मेळटले अशें व्हाइट हाउसान सांगलें. प्रशासनाच्या एका वरिश्ठ अधिकाऱ्यान सांगलें, अर्थीक वाड, पुरवण साखळी, कृत्रिम बुद्धिमत्ता, गुंतवणूक भागीदारी आनी वेग वेगळ्या जागतीक सुरक्षा आव्हानांचेर चर्चा जावपाची अपेक्षा आसा. बुधवारा,राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प प्रधानमंत्री मोदी हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेवपाचे आसात.

**BRICS Agri**
मध्य प्रदेशांतल्या इंदौर शारांत पांच दिसांच्या ब्रिक्स शेतकी परिशदेचो काल समारोप जालो. परिशदेत एकमतान 'इंडौर जाहीरनामो' आपणायलो. या जाहीरनाम्यात अन्नसुरक्षा, शेतकर कल्याण, हवामान-अनुकूल शेती, शेती व्यापार आणि डिजिटल शेती विशीं निर्णय घेतले. ब्रिक्स देश संवसारांतल्या अर्द्या लोकसंख्येचें प्रतिनिधित्व करतात आनी संवसारीक शेतकी उत्पादनांत सुमार 42 टक्के योगदान दितात अशें शेतकी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. इंदौर घोशणापत्र फकत कराराचो दस्तावेज न्हय तर ब्रिक्स राश्ट्रांच्या सामुहीक इच्छाशक्तीचे आनी सामायिक जापसालदारकेचें प्रतीक

अशें तांणी सांगलें. परिशदेंत चार नवे संस्थात्मक उपक्रम जाहीर जाले. तातूंत सैमीक आनी सृजनशील शेतीचेर संयुक्त संशोधन करपा खातीर उत्कृश्टता केंद्रांचें जाळें तयार करप, शेतकी मळार यांत्रिक बुद्धिमत्ता आनी डिजिटल तंत्रगिन्यान हाडपा खातीर ब्रिक्स डिजिटल नेटवर्क स्थापन करप, बियो आनी पारंपारीक बियाण-जातीच्या संवर्धनाक संबंदीत शेतकारांचे हक्क सुरक्षीत करपा खातीर जागतीक मंच स्थापन करप आनी ब्रिक्स एग्री-एन जाळें स्थापन करप हांचो आस्पाव जाता.
भारत सरकार शेतकारांक युरियाची गोणी 266 रुपया आनी DAPची गोणी 1350 रुपया दरान दितलें, आनी अतिरिक्त खर्चाचो भार सरकार स्वता सोसतलें अशें चौहान हांणी सांगलें.

**Army Chief**
सरकारान लेफ्टनंट जनरल धीरज सेठ हांची ३० जूनच्या दनपारा सावन नवे लष्कर प्रमुख म्हूण नेमणूक केल्या. ते सध्या लष्कर उपप्रमुख म्हणून कार्यरत आसात . सध्याचे लष्कर प्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी त्याच दिसा सेवेंतल्यान निवृत्त जातात. संरक्षण मंत्रालयाच्या एका निवेदना प्रमाण, लेफ्टनंट जनरल धीरज सेठ हे खडकवासलातल्या नॅशनल डिफेन्स अकादेमीचे आदले विद्यार्थी आनी डिसेंबर 1986त ते 'आर्मर्ड कोर रात रुजू जाले. सुमार चार दशकांच्या गौरवशाली लष्करी कारकिर्दीत तांका परिचालन ,धोरणात्मक, क्षमता विकास आणि संस्थात्मक अशा वेग वेगळ्या क्षेत्रांचो व्यापक अनुभव आसा. भारतीय लष्कराची लढाऊ क्षमता आणि दीर्घकालीन परिवर्तनात तांणी उल्लेखनीय योगदान दिला.

**US Iran**
इराणा बरोबरचे झूज सोंपवपाच्या कबलातिचेर आयज सयो जातल्यो आनी उपरांत रोखडोच धोरणात्मकदृष्ट्या महत्त्वाची Hormuz ची सामुद्रधुनी सगळ्यां खातीर उक्ती करतले अशें अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर तांणी ही घोशणा केल्या. त्याच वेळार अपेक्षा केल्ले प्रमाण ही कबलात जाली ना जाल्यार नव्यान हल्ले करपाची धमकी ट्रम्प हांणी तशीच दवरल्या. अमेरिकेच्या

राष्ट्राध्यक्षांनी या प्रस्तावित कबलातीची तुलना २०१५ तल्या संयुक्त कार्ययोजनेकडेन केल्या.

मजगतीं, खंयच्याय कबलातीचे सयो रोखडीच जावपाची शक्यताय ना अशें इराणाच्या पर्राश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते एस्मायल बघाई हांणी सांगलां, आयज अशें जावचें ना आनी फुडल्या दिसांनी जावंक शकता अशें सांगलां.

**Sabarimala**

केरळातले, नामनेचे सबरीमाला अय्यप्पा देवूळ आयज सावन 'मिथुनम' ह्या मल्याळम म्हयन्याच्य पुजां खातीर उक्तें जातलें. तांत्री कंदारारु महेश मोहनारु हांच्या उपस्थीतींत, मेलसंथी ई.डी. प्रसाद सांजचे ५ वरांचेर गर्भ कूड उक्ती करतले आनी पारंपारीक दिवो पेटयतले. भक्त www.sabarimalaonline.org ह्या सबरीमाला ऑनलाईन पोर्टलाचेर virtual queue सिस्टमा वरवीं darshan slots आरक्षित करूंक शकतात. देवूळ म्हयन्याच्या पुजां खातीर उक्तें उरतलें आनी विधी पुराय जाले उपरांत ह्या म्हयन्याच्या १९ तारखेर बंद जातलें.

**IMD**

नैऋत्य monsoon कर्नाटक, तेलंगणा, आंध्र प्रदेशांत फुडें सरला. फुडल्या तीन चार दिसांत ओडिशा आनी दक्षिण छत्तीसगडाच्या कांय वाठारांनी पावपाची शक्यताय आसा.भारतीय हवामान खात्यान (IMD) फुडल्या तीन ते चार दिसां खातीर अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, केरळ, माहे, ओडिसा, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी, कारायकल आनी ईशान्य भारताच्या कांय भागांत मुसळधार पावसाचो अंदाज उक्तायला.

**ICC**

आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषकांत भारतीय बायलांचो पंगड आयज बर्मिंघमांतल्या एजबॅस्टनात कट्टर प्रतिस्पर्धी पाकिस्ताना आड आपल्या मोहिमेची सुरुवात करतलो. ही मॅच भारतीय प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली.

**Cricket**

दादल्यांच्या क्रिकेटांत, हिमाचल प्रदेशांतल्या धरमशालांत जाल्ल्या तीन मॅचींचे मालेतल्या पयल्या एकदिसांच्या खेळांत भारतान अफगाणिस्तानचेर सात विकेटींनी

जैत मेळयलें. पावसाक लागून व्यत्यय आयल्ल्या ह्या खेळांत १९५ धांवड्यांचे लक्ष्य, भारतान २२.५ ओव्हरींनी साध्य केलें. भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदली दुसरी ODI 17 जूनाक लखनौत जातली.

**Yoga**

आंतरराष्ट्रीय योग दीस २०२६ चो एक भाग म्हूण आयुष मंत्रालयान मोरारजी देसाय नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ योग आनी हाबिल्ड हांच्या सहकार्यान आयज एक म्हत्वाचो जागतीक ऑनलायन योग कार्यावळ घडोवन हाडली.